Akashwani Panaji 23rd jan 2025

national news 6.30 pm

Pm netaji72

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांचा जयंती निमतान तांका आर्गा ओपली. हो दिस 'पराक्रम दिस' म्हणून मनयतात . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यांनी , ह्या दिसा नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांणी राष्ट्राक दिल्लें मोलादीक योगदान धैर्य आनी संकल्पनेचो उगडास करपाखातीर हो दिस मनयतात . प्रधानमंत्री मोदी हांणी नेताजीहे निर्भय फुडारपण आनी अखंड देशभक्तीची मूर्त रूप आसात आनी तांचे आदर्श पिळग्यांक एक बळिश्ट देश उबारपाची प्रेरणा दितात अशे मुखार सांगले .

Joshi 170

नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हद जोशी हांणी भारताच्या उर्जा संक्रमणाक लागून उद्देगीकीकरण, रोजगार निर्मिती आनी जागतीक स्पर्धात्मकताय वाडत आसा आनी उदरगतशील अर्थवेवस्थेचा आदर्शाची स्थापणूक जाता अशें हाणी सांगलां. दावोसांत जाल्ल्या संवसारीक अर्थीक माचयेर Energy- The Great Funding Gap ह्या विशयाचेर उच्च पांवड्यावेल्या अधिवेशनांत उलोवप करतना तांणी ,प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान नितळ उर्जेचें रुपांतर लोक केंद्रीत उदरगत चळवळींत केलां, तेच बरोबर उर्जा सुरक्षा घटमूट केल्या आनी वीज खर्च उणो केला अशे मुखार सांगलें . भारतान 267 गीगावॅट बिगर जीवाश्म इंधन क्षमताय मेळयल्या, जातूंत वट्ट स्थापन केल्ल्या वीज क्षमतेक सुमार 52 टक्के नवीकरणीय उर्जेचो वांटो आसा अशें मंत्री जोशी हाणी सांगलें. नवीकरणीय उर्जेचो खर्च उणो जाल्ल्यान उद्देग आनी घरां खातीर वीज दर उणो करपाक मदत जाता अशें तांणी नमूद केलें . तशेंच भारतान सौर मॉड्यूल, सेल, साठवण आनी वाऱ्याची उर्जा सयत नितळ उर्जा उत्पादनाच्या नेटान विस्तार केल्ल्यान व्हड प्रमाणांत

रोजगार निर्माण केल्ल्याचेर तांणी भर दिलो. संवसारीक अर्थीक माचयेच्या फाटभुयेर मंत्री जोशी हाणी नितळ उर्जा गुंतवणूक, तंत्रज्ञान सहकार्य आनी आंतरराष्ट्रीय भागीदारी मुखार व्हरपा खातीर मंत्री आनी जागतीक उद्देग फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय बसका घेतली.

Pm swami 100

भगवान स्वामीनारायण हांचें जिवीत आध्यात्मिक साधना आनी निस्वार्थ सेवा ह्या दोनूय स्वरूपाचे मूर्त रूप आशिल्लें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. समाज, राष्ट्र आनी मनीसपणाची सेवा करपा खातीर ताच्या अनुयायां कडल्यान अगणित मोहीम सुरू आसात अशें तांणी सांगलें. आयज शिक्षापत्री द्विषताबदी महोत्सव वेळार आभासी रिट्यानं केल्ल्या उलोवपांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी, शिक्षण आनी भलायके संबंदीत प्रकल्प, शेतकारांच्या कल्याणाचो संकल्प आनी उदका संवर्धनाक जोडिल्ले उपक्रम खऱ्या अर्थान तोखणायेचे आसात अशे सांगले . तांणी , सगळे पूज्य संत आनी भक्त समाजसेवे कडेन आपली जापसालदारकी सतत कायम दवरतात अशे सांगले. प्रधानमंत्र्यानी , भगवान स्वामीनारायणाचें जिवीत लोकसेवेक आनी भौशीक शिक्षणाक जोडिल्लें आसा आणी ताचें लोकजीणे खातीर अमूल्य मार्गदर्शना विषयी ते मुखार उलयलें .

Pm kerala 115

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज केरळांतल्या तिरुवनंतपुरमांत वेगवेगळे उदरगत प्रकल्प चालिक लाउन नव्या रेल्वे सेवांक पांचवो बावतो दाखयलो . प्रधानमंत्री मोदी हांणी पीएम स्वनिधी क्रेडीट कार्ड सुरू करून एक लाख लावार्थ्यांक पीएम स्वनिधीचे वितरण केलें . प्रधानमंत्री मोदी हाणी अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयो आनी एक प्रवासी गाडी सयत चार नव्या रेल्वे सेवांकूय बावतो दाखयलो . byte

Imd 20

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्‌दाख, गिलगीत, बाल्टिस्तान, मुजफ्फराबाद, पंजाब आनी उत्तराखंडात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

Sports 26

क्रिकेटांत आयज रायपूरच्या शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पांच मॅचींच्या मालिकेच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय दुसऱ्या मॅचींत भारत आनी न्यूझीलंडा मदी सांजवेळा 7:00 वरांचेर मॅच सुरू जातली.